## NATIONAL NEWS 8.40 AM 19TH DECEMBER 2025

Pm 194

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ओमान, इथिओपिया आनी जॉर्डन ह्या देशांची तीन राश्ट्रांची भेट केली . ओमान भेटी वेळार दोनूय राश्ट्रांनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी ओमानाचो सुलतान सुलतान हैथम बिन तारीक हांच्या हाजिरेंत व्यापक अर्थीक भागीदारी करार करून आपल्या द्विपक्षीय अर्थीक संबंदांत म्हत्वाचो मार्गदर्शक फातर थारायलो. दर्यावेलो सहकार, उच्च शिक्षण, शेती, बाजरेची लागवड ह्या मळार दोनूय वटांनी स करार आनी ओमान चेंबर ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्री आनी कॉन्फेडरेशन ऑफ इंडियन इंडस्ट्री हांचे मदीं संजिकायेचे कबलात केल्यात. प्रधानमंत्र्याक रॉयल पॅलेसींत विधीपुर्वक येवकार दिलो, आनी भारत-ओमान संबंदांत आनी दृश्टीकोन फुडारपणांत ताणें केल्ल्या अपवादात्मक योगदाना खातीर ताका 'ऑर्डर ऑफ ओमान' पुरस्कार, फावो जालो. वेपार, गुंतवणूक, संरक्षण, सुरक्षा, तंत्रगिन्यान, शिक्षण आनी  लोकां मदीं संबंद आशिल्ल्या द्विपक्षीय संबंदांची स्थिती पळोवन दोनूय फुडाऱ्यांनी संयुक्त निवेदनांत समाधान उक्तायलें. तशेंच गाझाचे मानवतावादी परिस्थितीचेर दोनूय वटांनी हुस्को उक्तायलो आनी नागरीकांक मानवतावादी मजत पावोवपाचो उलो मारला.

भारत-ओमान व्यापार शिखर परिषद दोनूय देशांमदल्या द्विपक्षीय संबंधांक नवीन दिशा आणि गती दितले अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी  म्हणला. मस्कतात भारत-ओमान व्यापार शिखर परिषदेत उलयताना हे सांगले. Byte modi सत्तर  वर्षांच्या

राजनैतिक संबंधांर उजवाड घालताना, ताणी म्हणाले की ही भागीदारी विश्वास आणि मैत्रीर बांधल्या आणि आता सामायिक वारशार रुजलेल्या समृद्ध भविष्याकडे पळयता

लोकसभेत प्रश्नोत्तराच्या वरां वेळार पुरव/णी प्रश्नांक जाप दिताना नागरी विमान येरादारी मंत्री राममोहन नायडू हाणी म्हणाले की, सरकारन उडान योजनेअंतर्गत विद्यमान हवाई पट्ट्यांक यशस्वीरित्या ऑपरेशनल aviationआत रूपांतरित केला. सरकार या योजने/वरवी देशभरात, विशेषतः ईशान्य आणि उत्तराखंडसारख्या राज्यांनी हेलिकॉप्टर ऑपरेशन्सक लेगीत समर्थन दिता असे नायडू हाणी म्हणले.

Bill-134

विकसित  भारत - रोजगर आनी अजीविका मिशनाची हमी (ग्रामीन): विकसित  भारत - जी राम जी विधेयक, 2025 संसदेन संमत केल्या आनी राज्यसभेन  मान्यताय दिल्या. विकसित भारत @2047 च्या राष्ट्रीय दृश्टीकोना कडेन जुळपी ग्रामीण उदरगतीची चौकटी स्थापन करपाचो ह्या विधेयकांत यत्न केला. कायद्या खाला, ज्या दरेका गांवगिऱ्या घरांतले प्रौढ वांगडी अकुशळ हाताचें काम करपाक स्वयंसेवक म्हणून काम करतात, तांकां दर अर्थीक वर्सा 125 दिसांची पगार रोजगाराची कायदेशीर हमी दितले. तशेंच संसदेन सस्टेनेबल हार्नेसिंग अँड ॲडव्हान्समेंट ऑफ न्यूक्लियर एनर्जी फॉर ट्रान्सफॉर्मिंग इंडिया (शांती) विधेयक, 2025 संमत केलां आनी राज्यसभेन  मान्यताय दिल्या. देशांतल्या लोकांच्या कल्याणाखातीर अणुऊर्जा तयार

करपाखातीर किरणोत्सर्ग तयार करपाचो हे कायद्याचो हेत आसा. सोशल मिडियाचेर प्रधानमंत्री मोदी हांणी भारताच्या तंत्रगिन्यानाच्या मळा हो एक परिवर्तनकारी खीण आसा अशें वर्णन केलां.

Liberation Day – 150

आज गोंय मुक्ती दीस.  राज्य पांवड्यावयलो गोंय मुक्ती दीस सुवाळो आज सकाळी 9.15 वरांचेर ताळगांव पठारावयल्या गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर हॅलीपॅड वाठारात जातलो. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन संचलनाची पळोवणी करतले आनी मानवंदना दितले. उपरांत गोंयच्या जनतेक उद्देशून भाशण करतले.राज्य पांवड्यावयल्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्याक मंत्रीमंडळातले वांगडी, आमदार, उच्च न्यायालयाचे न्यायाधिश, एडव्होकेट जनरल, सरकारी सचीव, अधिकारी हजर रावतले.राज्य पांवड्यावयल्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्यात शाळांची भुरगीं सांस्कृतिक कार्यक्रम सादर करतली.तशेंच मडगांवा जिल्हा पांवड्याचेर जावपी मुक्ती दीस सुवाळ्यात भौशीक बांदकाम मंत्री  दिगंबर कामत राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले जाल्यार फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर जावपी मुक्ती दीस सुवाळ्यात वीजमंत्री  सुदिन ढवळीकर राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले.

Who 60

आयज नवी दिल्लींत जावपी  दुसऱ्या संवसारीक भलायकी संघटनेच्या  जागतीक शिखर सभेच्या समारोप सुवाळ्यांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी वांटो घेतलो. ह्या संदर्भार प्रधानमंत्री ह्या मेळाव्याक मार्गदर्शन  करतले आनी आयुष् क्षेत्रा खातीर मास्टर डिजिटल पोर्टल माय आयुश इंटीग्रेटेड सर्विसेस पोर्टल सयत जायते म्हत्वाचे आयुश उपक्रम सुरू करतले. तशेंच आयुष उत्पाद आनी सेवांच्या दर्ज्या खातीर जागतीक मापदंड म्हणून कल्पना केल्ल्या आयुष मार्कांचें अनावरण करतले.ह्या कार्यावळी वेळार ते

योगाच्या प्रशिक्षणाचेर डब्ल्यूएचओचो तंत्रीक अहवाल आनी फ्रॉम रूट्स टू ग्लोबल रीच: 11 इयर्स ऑफ ट्रान्सफॉर्मेशन इन आयुश हें पुस्तक जाहीर करतले. भारताच्या पारंपारीक वखदी दायजाच्या जागतीक प्रतिध्वनीचें प्रतीक म्हुणुन ते  अश्वगंधाचेर यादस्तीक टपाल शिक्को जारी करतले . तशेंच भारतांतल्यान आनी संवसारभरांतल्या पारंपारीक वैजकी गिन्यान प्रणालींची विविधताय, खोलाय आनी समकालीन प्रासंगिकता दाखोवपी पारंपारीक वैजकी सोद जाग्याकय प्रधानमंत्री भेट दितले.

Sir 48

एसआयआर  खाला गुजरातांतल्या सगल्या विधानसभा मतदारसंघांचो मसुदो आयज उजवाडायतले. पुनर्विलोकन प्रक्रियेंत पारदर्शकता सुनिश्चीत करपा खातीर जिल्लो वेंचणूक अधिकारी मसुद्याच्या रोलाच्यो प्रती मान्यताय मेळिल्ल्या राजकी पक्षांच्या प्रतिनिधींक दितले. आयज ही वळेरी उजवाडाक आयिल्ल्यान दावे आनी हरकत दाखल करपाक अधिकृतपणान सुरु जाला आनी 18 जानेवारी 2026 मेरेन सक्रीय उरतले .

Pres 140 राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू आयज सकाळीं हैदराबादांत राज्य भौशीक सेवा आयोगांच्या अध्यक्षांच्या दोन दिसांच्या राष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण करतले. दोन दिसांच्या परिशदेक राज्यांतले भौशीक सेवा आयोग अध्यक्ष आनी देशभरांतले वरिश्ठ अधिकारी हाजीर आसतले. तेलांगनाचे राज्यपाल जिष्णू देव वर्मा आनी मुख्यमंत्री रेवंत रेड्डी आनी संघटनेचें भौशीक सेवा आयोग अध्यक्ष अजय कुमार हेय हया वेळार हाजीर आसतले. सरकारी नोकरी भरती प्रक्रियेंत मेळपी आव्हानां आनी समस्यां

वांगडाच सुदारणां विशीं चर्चा करपा खातीर राज्य  भौशीक सेवा आयोग अध्यक्ष आनी संघटनेचें भौशीक सेवा आयोग हांकां एकठांय हाडपा खातीर दोन दिसांची ही परिशद एक माची  म्हणून काम करतली अशी म्हायती तेलंगाना भौशीक सेवा आयोगाचे अध्यक्ष बी वेंकटेशम हांणी दिली. राज्यांतल्या भौशीक सेवा आयोगांच्या  अणभवांक लक्षांत घेवन सद्याच्यो आडमेळीं पयस करपा खातीर येवजण तयार करतले अशें तांणी सांगलें. भरतींत पारदर्शकता आनी जापसालदारकी वाडोवप, थारायिल्ल्या काळांत भरती प्रक्रिया पुराय करप अशा गजालींचेरूय हेरां मदीं चर्चा जातली अशें तांणी सांगलें.

Vp 89

काल सांजवेळा नवी दिल्लींत भारतीय कॅथलिक बिशप परिशदेन आयोजीत केल्ल्या वर्सुकी नाताळाच्या उत्सवाक उप्राष्ट्पती सी पी राधाकृष्णन हाजीर रावले. अस्तंत बंगालचे राज्यपाल dr  सी व्ही आनंद बोस हेय ह्या वेळार हाजीर आशिल्ले. नाताळाचो उत्सव सगळ्यांक शांतताय, करुणा, नम्रताय आनी मनीसपणाची सेवा हीं कालबाह्य मुल्यांची याद करून दिता अशें तांणी  मेळाव्याक मार्गदर्शन  केलें.

Railway72

नाताळ आनी नव्या वर्साच्या वेळार प्रवाशांचे सुटसुटितपणं   वेवस्थापन करपा खातीर भारतीय रेल्वे णव झोनांतल्यान 138 खाशेलीं गाडयो चालिक लायतल्यो . हयो गाडयो नियोजीत केल्यात, 650 भोंवडे प्रस्तावीत करून मान्यताय दिल्या. आतां मेरेन 244 भोंवडेची अधिसुचोवणी मेळळ्या अशें रेल्वे मंत्रालयान सांगलां.

Sports28

दादल्यांच्या क्रिकेटांत आयज अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांत भारत आनी दक्षिण आफ्रिका हांचे मदीं पांचवी आनी निमाणी टी-20 आंतरराष्ट्रीय सर्त जातली. सांजवेळा 7 वरांचेर ही मॅच सुरू जावपाची आसा.